**उत्सवांच्या फांटभूंयेर दक्षीण गोंयांत कायदो आनी सुवेवस्था  राखपा खातीर आवश्यक उपाय करपाचो जिल्होधिकाऱ्यांचो आदेश**

ता. 10 फेब्रुवारी 2026

चालू फेब्रुवारी म्हयन्यात आनी फुडल्या मार्च म्हयन्यात  दक्षीण गोंय आनी  कुशावती जिल्ह्यांत जावपी शिगमो, कार्निव्हल आनी छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सारख्या भौशीक उत्सवांच्या फांटभूंयेर दोनीय जिल्ह्यांचे उपजिल्हाधिकारी आनी उपविभागीय दंडाधिकाऱ्यांनी तांच्या संबंदीत अधिकारक्षेत्रात सगळ्या वेवस्थांचे नियोजन, पर्यवेक्षण आनी देखरेख करपाचे निर्देश जिल्होधिकाऱ्यान दिल्ले आसा.  ह्या उत्सवां निमतान व्हडा संख्येन लोक एकठाय येवपाची अपेक्षा आसा. दोनीय जिल्ह्यांनी कायदो आनी सुवेवस्था, भौशीक सुरक्षा आनी प्रभावी वेवस्थापन राखपा खातीर पुलीस यंत्रणां, नगरपालिका, भलायकी सेवा, उजो पालोवपी यंत्रणां, येरादारी विभाग आनी हेर संबंदीत यंत्रणांच्या समन्वयान आवश्यक प्रशासकीय उपाय करपाक सांगला.

कार्यक्रम आयोजकांनी  ध्वनी यंत्रणां,  डीजे, चित्ररथ, स्टेज आनी हेर गजाली खातीर लागू आशिल्लें नेम, सुरक्षा  आनी हेर  मार्गदर्शक तत्त्वांक पाळो दिवप आवश्यक आसा.

तशेंच उत्सव सुरक्षीत आनी वेवस्थितपणान जावपा खातीर उत्सवाच्या मुखेल सुवातेर वैजकी सुविधां, एम्बुलन्स सेवा, अग्निशमन दल आनी आपत्कालीन प्रतिसाद पंगडाची वेवस्था करपाचे  निर्देश जिल्हाधिकाऱ्यान दिल्यात.  उत्सवाच्या काळात शांतीकाय, सुरक्षीतता आनी सलोखो राखपा खातीर लोकांनी सहकार्य करचे,  अशें  जिल्हा प्रशासनान मागला.

म्हा /सप/    / विगां/ 2026/115

--
---------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.